०३-१०-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो

मुखेलमंत्री -

सत्य ,अंहिंसा, साधे राहणीमान आनी देशसेवा हाका महत्व दिवन गांधीजीन देशाच्या उदरगतीखातीर योगदान दिला. फकत राजकीय स्वांतत्र्य न्ही तर देश जेन्ना आत्मनिर्भर जातलो तेन्ना खऱ्या अर्थान स्वांतत्रायाची गोडसाण देशातल्या जण एक नागरीकाक चाखपाक मेळटली अशे गांधीची म्हणटाले. आयज ही विचारसरणी प्रत्येकान अंमलात हाडुन विकसित भारत आनी स्वयंपुर्ण गोय करपाच्या नदरेतल्यान जापसालदारकीन वागपाक जाय अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते पोरण्या गोंयां गांधी जयंतीच्या शासकीय कार्यावळीत उलयताले. गांधी जयंती सयत देशाचे आदले प्रधानमंत्री लाल बहादुर शास्त्री हांका तांच्या जयंतीनिमतान मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार आर्गा ओपली.

ह्यावेळार उत्तर गोंयचे खासदार श्रीपाद नायक, थळावो आमदार राजेश फळदेसाय, जिल्हा पंचायत अध्यक्ष धाकु मडकयकार ,आदली मंत्री निर्मला सावंत ,तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

माविन गुदिन्हो -

कदंबान गावगिऱ्या वाठारात येरादारीची महत्वाची सेवा दिल्या.कदंबा ही गोंयच्य येरादारी मळावेली लायफ लायन आसा. कदंबा बस सेवा फायदयाखातीर न्ही जाल्यार सेवा म्हण गोंय सरकार चलयता अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. कांय दिसांनीच कंदबा बसींचेर स्मार्ट ट्रान्सिस कार्ड सेव सुरु जातली. हे कार्ड सगळ्या कंदबा बसीनी वापरपाक मेळटले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या. ते कदंबा म्हामंडळाच्या 45 व्या वर्धापन दिसाच्य कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयातले. कदंबा म्हामंडळात 2 हजरापरस चड कर्मचारी काम करताता. राज्यात 550 कदंबा बसी चलतात असी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिल्या

जानेवारी 2026 मेरेन कदंब म्हामंडलाचे पुराय कामाची यंत्रणा डिजीटल जातली अशी म्हायती ह्यावेळार पंचायत मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी दिल्या. ह्यानफुडे कदंबा बसीचे लोकेशन अपावरवी उपलब्ध जताले अशेय तांणी सागंले. कदंबा बसींची सेवा आजुनु गोंयांत येरादारीच्या मलावेली महत्वाची सेवा जावन आसा अशे मत ह्यावेलरा मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी व्यक्त केला.

विश्वजीत राणे

आपणाक मंत्री म्हण मेळपी पगारातलो प्रत्येकी 20 हजार रूपया आपणे नितळसाण कर्मचाऱ्यांक तांच्या कामाचो आदर करीत दीवपाचे थारायला अशी घोशणा आयज शार उदरगत खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी केला.

गांधी जयंतीच्या फांटभुयेर शार उदरगत आनी गोंय राज्य शार विकास यंत्रणा खात्यान स्वच्छ भारत दिस कार्यावळीचें पणजे कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या बहुउद्देशीय सभाघरान आयोजन केले. त्यावेळार मंत्री विश्वजीत राणे उलयताले.

गोंयान सगल्या 13 नगरपालीकांनी ODF मुक्त, कोयर वेवस्थापन आनी नितळ उदका पुरवणीचो बरो दर्जो मेळयला, आनी Clean Coast-Clean Goa सारकिल्या उपक्रमांनी व्हडलीशी उदरगत केल्या. आतां स्वच्छ भारत मिशन 2.0 खाला आमचें लक्ष 100% कोयर वेगळे करप, शास्त्रीय पद्धतीन कोयर प्रक्रिया, आनी कोयरांतल्यान गिरेस्तकायेक येवपी नवनिर्माणाचेर भर दीवपाचेर सरकार लक्ष केंद्रीत करपाची मोख राज्य सरकारान दवरला अशे शार उदरगत खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगले.

ह्यावेळार शार उदरगत सचीव येतींद्र एम.मरालकर, शार उदरगत संचालक बृजेश मनेरकर आनी हेर अधिकारी तशेंच राज्यातल्या नगरपालीकेचे नगरसेवक हाजीर आशील्ले.

## पर्पल महोत्सव – ९०

राज्य पर्पल महोत्सवाची सुरवात ९ ऑक्टोबर सावन जातली. हो महोत्सव १२ ऑक्टोबर म□□चलतलो. दिव्यांग ख□ाड्यांक □पलो ख□ □नी □पली कला सादर करपाक य□ची ह्या खातीर या पर्पल महोत्सवात जायत्यो कार्यावळी घोशीत जाल्यात. ओंदुचो पर्पल महोत्सव एकवोटीत राष्ट्रसंघाच्या □दारान जाता □शिल्ल्यान ह्या महोत्सवान □ता द□ाची शिम हुपल्या अशें महोत्सव □योजकांनी सांगलां. पयल□फावट शारीरिक दृष्ट्या दिव्यांग मनशां खातीर या महोत्सवात व□□क्रिया ख□प्रकारांचा □सपाव क□ा . हांतुत स्कुबा डायविंग, प□□लिंग अशा ख□ांचा □सपाव □सा .पर्पल महोत्सवात दिव्यांग मनशां खातीर गरज त□ांत्रगिज्ञान तशेंच तंत्रगिज्ञानाचर□□धारीत य□ारी व□स्था तशेंच व□□कियो सोई सुविधा उपलब्ध करून दितल□अशें □योजकांनी सांगलां.

## हवामान - ४०

फुडल्या 7 दिसात राज्यात हलको त□मध्यम स्वरुपाचो पावस पडपाचो अदमास गोंय व□शाळ□ उक्तायला. राज्यात काल कांय सुवातांनी पावस पडलो. फुडल्या 7 दिसांत राज्यात चडान चड तापमान ३१ डिग्री स□सियस □सतल□ाल्यार उण्यात उण□ापमान २५ डिग्री स□सियस □सतल□सो अदमास उक्तायला.

## क्रिकेट - ४०

भारत आनी वेस्टइंडिज पंगडामदी अहमदाबादेत कालसावन सुरु जाल्ल्या पयल्या कस लावपी क्रिकेट खेळात, वेस्ट इंडिज पंगडाचो पयलो डाव १६२ धावंड्यात सोपलो. वेस्ट इंडिज पंगडान कुरुबावलो जिकून पयली फलंदाजी करपाचो निर्णय घेतलो. भारतान काल पयल्या दिसाचो खेळ सोपलो तेन्ना आपल्या पयल्या डावात २ बाद १२१ धावंड्यो केल्ल्यो.